प्रादेशिक खबरो

Date :16/03/2026 7.20 pm

आकाशवाणी पणजीच्या

मुखेल खबरो

गोंय सरकारान फोंडा पोट-निवडणुकेची आचारसंहिता आनी येवपी नगरपालिका निवडणुकां खातीर बजेट अधिवेशन अनिश्चित काळा खातीरस्थगित केलां.

कर्नाटकी कवी एच्चेम पेर्नाळ हांका साहित्य अकादमी पुरस्कार फावो जाला.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत फाल्या 17 मार्चक देशाचे आदले संरक्षण मंत्री आनी गोंयचे आदले मुख्यमंत्री सर्गेस्त मनोहर पर्रीकर हांका तांच्या पुण्यतिथ निमतान मिरामारच्या तांच्या स्मृती स्थळार फुलांहार घालून आर्गां ओपतले.

गोवा हिंदी अकादमीन राज्यातल्या उच्च माध्यमिक आनी महाविद्यालयीन विद्यार्थ्यांखातीर 'कलाविष्कार ' महोत्सव घडोवन हाडला.

फोंडे मतदार संघात जावपा आशील्ल्या  पोट-निवडणुकेची आचारसंहिता आनी येवपी नगरपालिका वेंचणुका खातीर गोंय सरकारान बजेट अधिवेशन अनिश्चित काळा खातीर स्थगित केलां.  सरकारान वोट ऑन अकाऊंटा बदला पुराय राज्य बजेट मंजूर करपाचो निर्णय आयज  घेतलो. 24 मार्च मेरेन जावपी विधानसभेचे  14 दिसांचे कामकाज फक्त सात बसका जाले उपरांत आयज स्थगित केले. 6 मार्चाक मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी 2026-27 र्थिक वर्साचो  अर्थसंकल्प सादर करून अधिवेशन सुरू जालें.

वट्ट 538 तारांकित आनी 2,हजार 318 अतारांकित प्रस्न विधानसभे मुखार दवरल्यात अशी म्हायती सभापती गणेश गांवकार हांणी दिली. तातूंतल्या 20 तारांकित प्रस्नांक सभाघराच्या कामकाजा वेळार जाप दिली, जाल्यार उरिल्ल्या 518 तारांकित प्रस्नांक आनी 900 अतारांकित प्रस्नांक बरयल्ली जाप दिली. फोंडा  पोंट मतदानाक चालीक लायिल्ले आदर्श आचारसंहितेचे नदरेन हो निर्णय घेतला अशें मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.

मजगती गोंय विधानसभेन आयज  ₹30हजर 194 कोटी राज्य अर्थसंकल्प संमत केलो. गोवा फॉरवर्ड पक्षाचे  आमदार विजय सरदेसाय हरकत उक्तावपा खातीर सभाघरांत रावले . अर्थसंकल्पीय मागणीं मदल्या फकत सुमार 21 % टक्के मागणीचेर चर्चा जाली, जाल्यार सुमार 79 %, टक्के  अनुदान मागण्यो

चर्चेविणे पास जाल्यो अशे सभाघराच्या नदरेक हाडुन दिले. आदलो मुखएलमंत्री मनोहर पर्रीकाराच्या हांच्या काळांत 2013 वर्सा केल्ले भशेन चार म्हयने VOTE OF ACCOUNT करपाचो मार्ग आपणावचो आनी उपरांत योग्य चर्चा जाले उपरांत पुराय अर्थसंकल्प समंत करचो असो उलो तांणी सरकाराक मारलो.

हाका जाप दिताना पुण फुडारात येवपी नगरपालिका वेंचणुकेक लागून आचारसंहिता बेगीन परतून लागू जावपाची शक्यताय आशिल्ल्यान सरकारान आतां पुराय अर्थसंकल्प संमत करपाचो निर्णय घेतला असो युक्तिवाद मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी केला. Byte: cm ३६ सेक

विरोधी पक्षाच्या फुडाऱ्यांच्या निशेधा मदीं गोंय विधानसभेन सोमारा ₹30हजार 194 कोटी राज्य अर्थसंकल्प संमत केलो. १५ खासगी थाराव मांडपाक दिंवक नाशिल्लयाच्या
फांटभुयेंर विरोधी पक्षातल्या

आमदारांनी सभापतीच्य सामकार वचुन निर्दर्शना केली. हांतुन विरोदी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव, आमदार विजय सरदेसाय, एल्टन डीकोस्टा, काल्लुस फरेरा, विरेश बोरकार, क्रुझ सिल्वा,वेन्झी विएगश हांचो आसपाव आशिल्लो.) आदेश दिंवन लेगीत विरोध पत्क्षातले आमदार आयकनात , तशेच सभाघराचे कामकाजात आडमेळी हाडटात म्हण सभापती गणेश गांवकार हांणी ह्या आमदारांक सभाघरांतल्यान भायर काडपाचो आदेश दिलो. सबाघरातल्यान भायर काडना फुडे वोऱीध पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी सराकर हुकुमशाय करता, गोंयकारांचे प्रस्न मांडपाक दिना असो आरोप केला.

सुशांत 110

नवी दिल्लीतल्या साहित्य अकादमीवतीन दिवपी पुरस्कार जाहीर जाल्ले आसून कोंकणी विभागातलो पुरस्कार पेर्नाळ उडुपी हांगाचे एच्चेम पेर्नाळ ह्या नावान साहित्य बरोवपी कर्नाटकांतले कोंकणी कवी हेन्री इग्नेशियस मेन्डोसा हांच्या पुस्तकाक फावो जाला.
कोंकणी काव्यें: रुपा आनी रुपकां ह्या तांच्या कोंकणी कवितेवयल्या समिक्षात्मक पुस्तकाक आयज हो पुरस्कार जाहीर केला. कविता प्रकाशनावतीन हे पुस्तक प्रकाशित केल्ले आसून ज्ञानपीठ पुरस्कार जैतिवंत दामोदर मावजो हांची ह्या पुस्तकाक प्रस्तावना मेळ्ळया.
एच्चेम पेर्नाळ हे कर्नाटकांतले नामनेचे कवी आसून आतामेरेन तांचे सात कविता झेले आनी हेर पुस्तकां प्रकाशित जाल्यात. विश्र्व कोंकणी प्रतिश्ठानाचो विमला पै कविता पुरस्कार तसेच कविता ट्रस्टाचो माथाईस कुटुम कविता पुरस्कार हांकां फावो जाला. पेर्नाळ हे किटाळ डॉट कॉम ही कोंकणी वेबपत्रिकाय चलयतात आनी हे वेबपत्रिकेचे ते संपादकय जावन आसात.

60

देशाचे आदले संरक्षण मंत्री आनी गोंयचे आदले मुख्यमंत्री सर्गेस्त  मनोहर पर्रीकर हांची पुण्यतिथ फाल्या ला, 17 मार्च 2026 दिसा मिरामारच्या तांच्या स्मृती स्थळार पाळपात येतली. सकाळी 10.30 वराचेर मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आनी हेर मानेस्त मिरामार हांगाच्या सर्गेस्त. मनोहर पर्रीकर हांच्या पुतळयाक फुलांहार घालतले आनी समाधीचेर फुला घालून तांका आर्गा ओपतले. सगळया मानेस्तांसयत सरकारी सचीव, खातेप्रमूख आनी अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित रावतले.

20

NITIAayogच्या वित्तीय भलायकी निर्देशांक 2026 त पयल्या 10 कामगिरी करपी राज्यां मदीं गोंय क्रमांकचेर  आसा तेविशी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी आयज सांगले .

जाण 90

गोवा हिंदी अकादमीन राज्यातल्या उच्च माध्यमिक आनी महाविद्यालयीन विद्यार्थ्यांखातीर 'कलाविष्कार ' महोत्सव घडोवन हाडला. कला आनी संस्कृती खात्याच्या जोड पालवान जावपी ह्या सर्तीत राज्यातल्या महाविद्यालयीन विद्यार्थ्यांनी व्हडा संख्येन वांटेकार जावंचे अशे आयोजकांनी मांगला. ह्यो कलाविष्कार सर्ती २७ मार्चक इन्स्टिट्यूट मिनेझीस ब्रागांझा सभाघरात सकाळी साडे णव ते सांजे साडे पाच मेरेन चलतल्यो.

लोकगीत समूह गायन, देशभक्तीपर समूह गीत गायन, बॉलीवूड लोकनाच समूह सर्त, हिंदी लघु नाटक सर्त आनी मोनोलॉग अशा वेगवेगळया सर्तानी वांटेकार जावंक राज्यातल्या उच्च माध्यमिक आनी महाविद्यालयांनी २० मार्च मेरेन आपले अर्ज गोवा हिंदी अकादमी कार्यालयात सादर करचे अशें मांगलां.

Dip130

शिक्षणीक संस्थांनी आपल्या शाळांनी मासिक पाळयेच्या नितळसाणीच्यो सुविधा उपलब्ध करपाचो आदेश सर्वोच्च न्यायालयान दिला, अशी म्हायती शिक्षण संचालनालयान दिल्या. सर्वोच्च न्यायालयान आपल्या आदेशात म्हणला,दर एका शाळेत वापरपायोग्य उदकाची सोय करची तशेच चले आनी चलयां खातीर वेगळी शौचालयां आसपाक जाय. शाळेतल्या शौचालयांनी हात धुवची सुविधा, साबण आनी उदक सदाच आसपाक जाय. तशेंच प्रत्येक शाळेन ASTM D-6954 मानकांप्रमाण तयार केल्ले ऑक्सो-बायोडिग्रेडेबल सॅनिटरी नॅपकिन्स फुकट उपलब्ध करपाक जाय. असले सॅनिटरी नॅपकिन्स चलयां खातीर चड करून शौचालयाच्या जागेत सॅनिटरी नॅपकिन व्हेंडिंग मशीन वरवीं वा जंय सॅनिटरी नॅपकिन व्हेंडिंग मशीन बेगीन बसोवप शक्य ना थंय थारावीक जागेर

वा  शाळेत नियुक्त अधिकाऱ्यां वरवीं सोपेपणी उपलब्ध करून दिवचे.त्याच प्रमाण प्रत्येक शाळेन मासिक पाळी नितळसाण वेवस्थापन  (MHM) कॉर्नर स्थापन  करपाक  जाय. विद्यार्थ्यांची  भलायकी  आनी नितळसाणी  खातीर राज्यातल्या सगळ्या शाळा वेवस्थापनांनी सर्वोच्च न्यायालयाच्या निर्देशांचे पालन करचे, शिक्षण संचालनालयान मागला.

११०

घर खात्यान स्वातंत्र्य सैनिकांच्या भुरग्यांक सरकारी नोकरी दिवपाच्या येवजणे खाला  नोकरे खातीर नोंदणी करपाक निमाणी संद जाहिर केल्या. घर खात्यान 2013 वर्सा स्वातंत्र्य सैनिकांच्या भुरग्यांक सरकारी नोकरी दिवपाची येवजण अधिसुचीत केल्ली. ह्या येवजणे खाला नोंदणी केल्ल्या स्वांतत्र्य सैनिकांच्या पात्र भुरग्यांग विविध सरकारी खात्यांनी नोकरयो  दिल्यात.

पुण अशें नदरेक आयला की कांय स्वांतत्र्य सैनिकांच्या भुरग्यांनी विविध कारणांक लागून ह्या येवजणे खाला नोंदणी केल्ली ना. ते खातीर  अशां सगळयां भुरग्यांनी ह्या येवजणे खाला नोंदणी करपाचो अर्ज मेळोवपा खातीर बापायच्या वा आवयच्या  स्वांतत्र्य सैनिक दाखल्या सयत 17 ते 31 मार्च 2026 मेरेन घर खाते, सचिवालय पर्वरी हांगा संपर्क करचो. मुजती उपरांत आयिल्ले अर्ज  स्विकारचे नात  आनी ह्या येवजणे खाला नोंदणी करपाक ही निमाणी संद आसतली.

हवामान 45

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान३३ औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २३.५औंश  सेल्सिअस नोंद जाला. तशेच मुरगावात चडात चड तापमान ३३.४औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २४.6 औंश  सेल्सिअस नोंद जाला तशेच फुडले काय दिस राज्यत हवामान सुकें आसतले.

खेळ ४५

गोवा रिलीगेशन लीग फुटबॉल सर्दीत गार्डियन एंजल स्पोर्टस क्लबने बिदेश इलेव्हन पंगडाचेर २ आड १ असे जैत जोडले . हो खेळ म्हाप यातल्या धुळेर स्टेडियमर जाला.

परतून एक फावट काय  मुखेल खबरो

गोंय सरकारान फोंडा पोट-निवडणुकेची आचारसंहिता आनी येवपी नगरपालिका निवडणुकां खातीर बजेट अधिवेशन अनिश्चित काळा खातीरस्थगित केलां.

कर्नाटकी कवी एच्चेम पेर्नाळ हांका साहित्य अकादमी पुरस्कार फावो जाला.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत फाल्या 17 मार्चेक देशाचे आदले संरक्षण मंत्री आनी गोंयचे आदले मुख्यमंत्री सर्गेस्त मनोहर पर्रीकर हांका तांच्या पुण्यतिथ निमतान मिरामारच्या तांच्या स्मृती स्थळार फुलांहार घालून आर्गा ओपतले.

गोवा हिंदी अकादमीन राज्यातल्या उच्च माध्यमिक आनी महाविद्यालयीन विद्यार्थ्यांखातीर 'कलाविष्कार ' महोत्सव घडोवन हाडला.

आमचे फुडले खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी सात जावण 25 मिंनटाचेर इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपल्या.